उत्तर गोंय जिल्लो दंडाधिकाऱ्यान इफ्फी खातीर कलम 144 लायलो

17 नोव्हेंबर 2022

कार्तिक 26, 1944

उत्तर गोंयच्या जिल्लो दंडाधिकाऱ्यान गुन्यांवकारी प्रक्रिया संहिता, 1973 च्या कलम 144(1) खाला पणजी पुलीस स्टेशन आनी आगशी पुलीस स्टेशनाच्या अधिकार क्षेत्रांत पांच वा चड लोकांक एकठांय येवप आनी एकठांय करप आनी मिरवणूक काडप वा मिरवणूक घडोवन हाडप; बंदूक वा गुन्यांवां खातीर वापरपाचीं शस्त्रां म्हळयार लाठी, तलवारी, खंजीर वा भाले असल्यो वस्तु दवरप; ध्वनीक्षेपकांचो वापर; नारे दिवप; पेट्रोल पंपा लागसार आनी बसकेच्या सुवातींनी आनी हेर खंयच्याय भौशीक सुवातेर, रस्तो, चौक, मार्ग, बाय-लेन वा 53 व्या आंतरराष्ट्रीय फिल्म फेस्टिवल ऑफ इंडिया कार्यावळीच्या सुवातेर वा ताच्या भोंवतणी 500 मीटर त्रिज्याच्या खंयच्याय उक्त्या सुवातेर फटाके जळोवप हांचेर बंदी घातल्या.

फुडें निर्देश दिला की वयलो निर्बंध, सेवेचेर आशिल्ल्या भौशीक सेवकांक आनी लग्न वा निमाणे संस्कार मिरवणूक वा खंयच्याय खाशेल्या प्रसंगाक वा जे जिल्लो दंडाधिकारी/अतिरिक्त जिल्लो दंडाधिकारी/उपविभागीय दंडाधिकाऱ्यांच्या मतान, खरे आनी जाचे खातीर जिल्लो दंडाधिकाऱ्या/अतिरिक्त जिल्लो दंडाधिकाऱ्या कडल्यान वा संबंदीत उपविभागीय दंडाधिकाऱ्या कडल्यान आदी लेखी परवानगी घेतल्या असल्या प्रसंगांक लागू जावचो ना .

हो आदेश 19 नोव्हेंबर 2022 सावन लागू जातलो आनी 28 नोव्हेंबर 2022 मेरेन लागू उरतलो.

DI/NB/AXP/RM/UH/2022/1134

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity

3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji